# Panaji regional news 26 April 2026, 7.20pm

## मन की बात

तमिळनाडूंतल्या कल्पकम हांगाच्या फास्ट ब्रीडर रिएक्टरान  यश मेळोवन भारताचो अभिमान वाडोवपा खातीर देशांतल्या अणुकेंद्रीय शास्त्रज्ञांची आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तोखणाय केली. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मान की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना श्री मोदी हांणी म्हणलें की,.भारताच्या अणुऊर्जा प्रवासांतलो हो इतिहासीक मार्गदर्शक फातर ठरला nuclear reactor पुरायपणान देशी तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून बांदला अशें तांणी स्पश्ट केलें.ही शक्त भारताक मुखार व्हरता अशें सांगून प्रधानमंत्री मोदी हाणी  पावन उर्जेच्या शक्ती विशींय उलोप केले . भारतान हालीं वाऱ्याच्या उर्जेच्या मळार एक व्हडलें यश साध्य केलां हें लक्षांत घेवन तांकां खोशी जाली. मन की बात ह्या आयच्या कार्यावालीन  प्रधानमंत्री मोदी हांणी चालू आशिल्ल्या जनगणना मोहिमेक उजवाड घालो. संवसारांतली सगळ्यांत व्हडली जनगणना मोहिमेची जाणविकाय दरेका भारतीयाक आसूंक जाय अशें तांणी सांगलें. 2027 वर्साची जनगणना डिजिटल केल्या आनी सगळी म्हायती थेट डिजिटल स्वरुपांत नोंद जाता अशें श्री मोदी हांणी विस्तारान सांगलें.मे म्हयन्याच्या पयल्या दिसा बुध्द पूर्णिमा मनयतना मे म्हयनो पवित्र वातावरणात  सुरु जाता. अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.भारतीय राष्ट्रीय अभिलेखागारान 20 कोटी वयर अमूल्य दस्तावेज डिजिटल करून भौशीक केल्यात अशेंय प्रधानमंत्री हांणी सांगले.. ह्या दस्तावेजांत भोजपत्राचेर बरयल्लीं सातव्या शेंकड्यांतली गिल्गीत हातबरपां, आनी आठव्या शेंकड्यांतलो एक मनोरंजक सिरिभूवलाय ग्रंथ आस्पावता अशें ताणें उजवाडाक हाडलें.

## धावेच्या परीक्षेचो निकाल

गोंय माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शिक्षण मंडळाच्या मार्च २०२६ धावेच्या परीक्षेचो निकाल ९४ पूज्य ५१ टक्के लागला. गोंय शालांत मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेटये हांणी आयज सांजे पर्वरीच्या कार्यालयात हो निकाल जाहीर केलो.धावेची परिक्षा १३  मार्च ते ९  एप्रिल २०२६  मेरेन राज्यांतल्या ३२ केंद्रांनी जाली.हे परीक्षेक वट्ट २० हजार ६१८ विद्यार्थी परीक्षेक बशील्ले तातूंतले १९ हजार ४८६ विद्यार्थी पास जाले. दर वर्सा प्रमाण अंदूंय रिजल्टाचेर चलयांचो शेक गाजयला.वट्ट ९,८०५ चलयां मदीं ९,४१४ चलयो पास जावन ९६.०१% सरासरी  मेळ्ळया.१०,८१३ चले १०,०७२ चले पास जावन ९३.१५% सरासरी मेळ्ळया.राज्यांतल्या वेगवेगळ्या तालुक्यांमदीं पेडणे तालुक्यान ९८.१६% निकाल मेळोवन पयलें स्थान मेळयलां. हेर मुखेल तालुक्यांची कामगिरी अशी आसा:• काणकोण: ९६.६५%• फोंडा: ९६.४१%• दिचोली : ९५.९६%• तिसवाडी : ९५.१४%ज्या  विद्यार्थ्यांचो निकाल ‘गरज सुदारणा (एन.आय)’ अशें चिन्न आसा तांकां मंडळ पूरवणी  परिक्षा दितले.• खाजगी विद्यार्थ्यांचो निकाल 31.29% लागला.

## गौतम खट्टराक

गौतम खट्टर हाका ६ दिसांची पोलिस कोठी रिमांड  सेंट फ्रान्सिस झेवियर हांचेर आक्षेपार्ह विधान करून धर्मीक भावना दुखोवपाच्या आरोपाखाला अटक केल्ल्या गौतम खट्टर हाका आज वास्को न्यायालयान स दिसांचे पोलीस कोठयेचो रिमांड फर्मायलो . क्राईम ब्रांच पोलिसांनी दोन दिसांआदी कुल्लू हिमाचल प्रदेश हांगा अटक केल्ली.  आज ताका वास्को न्यायालया मुखार उबो केलो. वास्को हांगा एके कार्यावळीत उलयताना खट्टर हाणें हे आक्षेपार्ह उलोवप केल्ले.. हिमाचल प्रदेशांतल्या कुल्लू जिल्ह्यांतल्यान अटक केले उपरांत गोंय गुन्यांव फांट्याचे निरिक्षक परेश नायक, पुलीस उपनिरिक्षक माधव नायक आनी हवालदार नवीन पालयेंकार हांच्या पंगडान आयतारा दनपरां तीन दिसांच्या ट्रांझिट रिमांडाचेर गौतम खट्टराक मोपा विमानतळार हाडलो. आतां ताका रायबंदरच्या गुन्यांव फांट्यांत हाडला. कुल्लू, हैदराबाद आनी उपरांत गोंय असो प्रवास करून पुलीस पंगड दुबाविताक घेवन गोंयांत पाविले .

**कोंकणी नाट्य लेखन शिबीर'**

मडगाव : गोवा कोंकणी अकादेमीन, कोंकणी नाटक संगीत अकादेमी आनी थॉमस स्टीवन्स कोंकणी केंद्र हांच्या जोडपालवान कोंकणी नाट्य क्षेत्रांतल्या आमंत्रीत लेखकां खातीर एक खास 'कोंकणी नाट्य लेखन शिबीर' घडोवन हाडलां. हें शिबीर 30 एप्रील ते 2 मे 2026 ह्या काळांत थॉमस स्टीवन्स कोंकणी केंद्र , परवरी हांगा जातलें.ह्या शिबिराचे मुखेल मार्गदर्शक म्हणून नामनेचे नाट्यलेखक, दिग्दर्शक आनी अभिनेते अभिराम भडकमकर मार्गदर्शन करतले. अभिराम भडकमकर हे भारतीय रंगभूंय आनी चित्रपट सृश्टींतले एक प्रतिभावंत व्यक्तिमत्व. दिल्लीच्या नॅशनल स्कूल ऑफ ड्रामा हांगाच्यान तांणी नाट्यशास्त्राचें प्रशिक्षण घेतलां. तांणी 'बालगंधर्व', 'पछाडलेला', 'खबरदार' सारक्या सुमार 30 चित्रपटांचें लेखन केलां, तशेंच 'देहभान', 'ज्याचा त्याचा प्रश्न', 'वानप्रस्थ' सारकीं 12 गाजलेलीं नाटकां बरयल्यांत. तांची नाटकां हिंदी, गुजराती आनी कन्नड भाशेंतय सादर जाल्यांत.फक्त लेखनापुरतेंच मर्यादीत रावनासतना, तांणी 'चाणक्य', 'सैलाब' सारक्या मालिकांनी आनी जायत्या चित्रपटांनी अभिनय केला. 'असा बालगंधर्व', ' अॅट एनी कॉस्ट' आनी 'सीता' सारक्यो तांच्यो कादंबऱ्यो खूब गाजल्यात. तांच्या कलेची दखल घेवन तांकां महाराष्ट्र सरकाराचे जायते पुरस्कार, झी गौरव, मटा सन्मान आनी नाट्य मळार सगळयांत मानाचो 'संगीत नाटक अकादमीचो राष्ट्रपती पुरस्कार' मेळ्ळा.कोंकणी नाटकांची मांडणी, संवाद लेखन आनी नाट्य तंत्रांत सुदारणा करपाच्या उद्देशान गोवा कोंकणी अकादेमीन हें शिबीर आयोजीत केलां. हें शिबीर फक्त आमंत्रितां खातीर आसून, कोंकणींतल्या निवडक नाट्यकर्मींक नामनेच्या मार्गदर्शका कडल्यान नाट्य लेखनाचे बारकावे शिकपाची संद मेळटली. नाट्य मळावयल्या रसिकांनी आनी संबंदितांनी ह्या उपक्रमाची नोंद घेवची, अशें आवाहन गोवा कोंकणी अकादेमीन केला.

**व्यंगचित्रकार**

नामनेचे व्यंगचित्रकार मारिओ द मिरांडा हांचा जन्मशताब्दी वर्षानिमतान कला आनी संस्कृती संचालनालय पणजेच्या संस्कृति भवनांत 28 ते 30 एप्रिल 2026 मेरेन दनपारां 2.30 ते 5.30 वरां मजगतीं 3 दिसांच्या काळा खातीर व्यंग चित्र कार्यशाळा घडोवन हाडटले. ही कार्यशाळा कला विद्यार्थ्यांक / हौशी कलाकारांक एकठांय येवन प्रदर्शनांतल्यान व्यंग चित्र रेखाटनांची सृजनशील शैली शिकपाक मेळतळी. कार्यशाळेत तज्ञ मार्गदर्शन करतले . कला विद्यार्थी / हौशी कलाकार आनी 12 वर्सां वयर भुरगीं कार्यशाळेंत वांटो घेव शकतात .कार्यशाळेंत वांटो घेवंक तयार आशिल्ल्या व्यक्तीन/ भुरग्यांनी वेवस्थीत भरिल्लो अर्ज 27 एप्रिल 2026 मेरेन पट्टो, पणजी हांगाच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या कार्यालयांत सादर करचो वा ईमेलाचेर: aco6-dac.goa@nic.in.

**कालोवणी**

आकाशवाणीपणजी केंद्राच्या खबर विभागावरवी कंत्राटी पाधातीचेर खबरा निवेदक घेव्पाचे आसात .पात्र उमेदवाराकडल्यान त्याखातीर अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचे असा . तशेच पिराय २१ ते 50 वर्सा आसपाक जाय . अर्ज करपाचीनिमाणी तारीक १७ मे २०२६ आसा.

**आतां फुटबोल:**

गोंय फुटबोल संघठणेन घडोवन हाडिल्ले फुटबोल सर्तींत धेंपो स्पोर्टस क्लब आनी स्पोर्टींग क्लूब दि गोवा पंगडांमदीं जाल्लो खेळ 2/2गोलांनी बादाबाद उरलो. जी एफ ए च्या धुळेर खेळा मैदानाचेर खेळयल्ल्या खेळांत धेंपो स्पोर्टस क्लबाच्या वतीन स्वेवल फुरतादो आनी राहूल रोड्रीगीशान दरेकी एक गोल मारलो जाल्यार स्पोर्टींग क्लूब दी गोवाच्या वतीन डोयल आलवीस आनी जोयसन गांवकार हाणी गोल परतीले. ह्या खेळावरवीं दोनय पंगडांक एकेक गुण फावो जाला.

इतले मजगतीं, जी एफ ए पयले डिवीजन लीग सर्तींत रोजरी चर्च मैदानाचेर जाल्ल्या खेळांत क्लूब सां मिंगेल ताळगांव पंगडान मनोराच्या युथ क्लबाचेर 3आड 1गोलान जैंत मेळयलें. ताळगांवां वतीन नियाळ तांबकान हेट्रीक केली  जाल्यार  मनोरा वतीन पंकज थापान गोल केलो.

## हवामान

हवामान खात्यान आयज नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान। 35 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे। 27.9 अंश सेल्सिअस तापमानाची नों द जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड।34.6 अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे। 26.8 अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद जाल्या. फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान। 34 ते। 36 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान। 25 ते। 26 अंश सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा.तापमान सरासरीपरस चड वाडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान लोकांनी जतनाय घेवची, वतांत चड भायर सरचें न्हय, सुती कपडे वापरचे, वता सावन तकलेचें संरक्षण करचें असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.